॥ अथ श्रीसाईसच्चरीत ॥ अध्याय ५३ ॥

॥ श्रीगणेशाय नमः ॥ श्रीसरस्वत्यै नमः ॥ श्रीगुरूभ्यो नमः ॥ श्रीकुलदेवतायै नमः ॥ श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथाय नमः ॥ श्रीसाई साक्षात ब्रह्ममुर्ती । संतसम्राट चक्रवर्ती । समर्थसद्‌गुरू दिगंतकिर्ती । बुद्‌दीस्फुर्ती प्रदायक ॥१॥ अनन्यभावान तांकां शरण । वंदुया तांचे पुण्यचरण । संवसार भंयाचें करून [१]हरण । चुकयता जो जल्ममरण ॥२॥ फाटल्या अध्यायांत दिल्लें वचन । ''पयलीं करून सिंहावलोकन । उपरांत अवतरणिका दिवन । ग्रंथ पूर्ण करतलों'' ॥३॥ पंतहेमाडांनी अशें म्हणलें । पूण तें ना तशें घडलें । अवतरणिकारूप सार काडलें । काय उरलें विसर पडून ॥४॥ जाणें सुरू करचें ग्रंथलेखन । ताणेंच तें करचें पूर्ण । अखेरेक अवतरणिका दिवन । असो नेम सगल्याक ॥५॥ पूण नेमांक आडवाट आसता । ताचोच अणभव हांगा दिसता । स्वताचे इत्शेचेर कांयच नासता । [२]अघटीत मनोगत श्रीसाईंचें ॥६॥ हेमाड अचकीत दिवंगत । मनां सगल्यांचीं जालीं दुखेस्त । अवतरणिकेची कळना जाली [३]मात । सुचना जालें कांयच कोणाक ॥७॥ [४]अण्णासाहेबांचें दप्तर गहन । व्हडा यत्नांनी करून संशोधन । तांचे पूत श्री. गजानन । गरज तितलें म्हाका दिताले ॥८॥ अण्णासाहेब काटकसरी । फुकट वचपाक दिनासले चिटोरी । काम करताले कलाकुसरीं । सभाव अशे तरेचो तांचो ॥९॥ चिटाऱ्यांचेर अध्याय बरयत । तेच दिताले छापप्याच्या हातांत । नस्तो खर्च नासलो आवडत । येवचीना सर तांची कोणाक ॥१०॥ निर्जीव बावडी ती चिटोरी । दया येताली तांच्या अंतरीं । हीं

१. ना करून. २. बळिश्ट. ३. चमत्कार. ४. ग्रंथकार अण्णासाहेब दाभोलकर.

उद्धारतलीं कशे रितीं । [1]संतकेसरी सेवे वीण ॥११॥ दिसतालें आयलें जावये हेमाडजिवा । करताले चिटोऱ्यांचो मेळावा । तांचे कडल्यान करून घेताले सेवा । हेत श्रेश्ठ हो आसुये ॥१२॥ निमाण्या अध्यायाची तीच रीत । बरयिल्लो आसुंये चिटोऱ्यांत । सोदली खूब तरीय तातूंत । मेळ्ळिना अवतरणिका अखेरे मेरेन ॥१३॥ गजाननराव आनी हेरांक गजाल सांगली । बाबासाहेबांकूय जाणीव दिली । त्या सगल्यांची चर्चा जाली । निर्णय जालो अवतरणिका घडोवपाचो ॥१४॥ बाबासाहेबांनी मुजत घाली । श्रीसाईलिलेंत प्रसिद्ध केली । मुजतीची मुजत सोंपून गेली । तरीय घडना अवतरणिका ॥१५॥ हेमाड गोविंद सद्‌गुणखाणी । तांच्या मुखांतल्यान वेदान्त भरताले पाणी । ग्रंथांत प्रगट्टाली प्रसादवाणी । अद्‌भूत करणी गुरूकृपेची ॥१६॥ सद्‌गुरू साईभक्त अनंत । तातूंत कविरत्न हेमाडपंत । तांचे सारको आसत जो प्रज्ञावंत । तोच श्रेश्ठ मनीस ती करतलो ॥१७॥ खंयसरूच अवतरणिका मेळना । खिन्नपण आयलें म्हज्या मना । केली [1]दत्तगुरूंची प्रार्थना । दयेचें मागणें मागलें तांचे कडेन ॥१८॥ हांव पामर बुद्‌दीमंद । नात विचार, विद्यागंध । कसो जातलो म्हज्यान ओवीप्रबंध । कवित्वअंध हांव मूळचोच ॥१९॥ पूण हाका आसा आदार एक । योग्य दिसलें जर सद्‌गुरूक । मेरू उखलूंक लायतात मुसाक । अधिकार व्हड तांचो ॥२०॥ परत प्रार्थना करतकूच महादेवाक । कृपा आयली साईनारायणाक । दिली उर्बा म्हजे मतीक । अवतरणिका बरोवपाक सत्वर ॥२१॥ शक्त नासली कवित्व करपाक । म्हजे बुद्‌दीची जाणीव गुरूरायाक । करून नमन तांच्या चरणांक । केलो आरंब अवतरणिका बरोवंक ॥२२॥ अवतरणिका ग्रंथ–[2]खंड । करतले साई वक्रतुंड । तांचें वैभव

१. श्रीसाईबाबा. २. श्रीसाईसच्चरीत ग्रंथाचो भाग.

अद्‌भूत प्रचंड । म्हजें तोंड निमता पुरतेंच ॥२३॥ 'पयल्या अध्यायांत' मंगलाचरण । विघ्नहर्ता विश्व बी कारण । गौरीशंकर कंठमंडन । श्रीगजवदनाक केलें नमन ॥२४॥ जी अभिनव वाग्विलासिनी । चातुर्यकलाकामिनी । ती श्रीशारदा विश्वमोहिनी । इश्टार्थ दाखयतलेक केलें नमन ॥२५॥ कुलगुरू आप्तइश्ट गुरूजन । सगूण अवतार संतसज्जन । शरण्य सद्‌गुरू [१]कैवल्यनिधान । साईभगवानाक केलें नमन ॥२६॥ गंव दळपाची कथा सांगून । महामारीचें पूर्ण उपशमन । कशें केलें तें स्पश्ट करून । सांगलें श्रीसाईसामर्थ्य ॥२७॥ सध्याचें ग्रंथप्रयोजन । हेमाडपंत नामकरण । गुर्वनवश्यकता–विवादखंडन । दर्शन हेमाडांक 'दुसऱ्या अध्यायांत' ॥२८॥ ग्रंथ बरोवपाक आज्ञापन । कशें आयलें साईमुखांतल्यान । पठाणाचें वृत्त कथन । केलें पूर्ण 'तिसऱ्या अध्यायांत' ॥२९॥ जगच्चालक–कंठाभरण । साधुसंतांचें अवतरण । हे धरतरेर कसल्या कारणान । केलें विवरण विस्तारान ॥३०॥ दत्त अवतार अत्रिनंदन । साई साक्षात [२]हरिचंदन । शिरडी क्षेत्रांत पयलें आगमन । वर्णन समग्र 'चवथ्यांत' ॥३१॥ शिरडीच्यान गुप्त जावन । परत थंयच प्रगट जावन । केले सगल्यांक विस्मयसंपन्न । श्रीमंत पाटला सयत ॥३२॥ गंगागीर बी संतसंमेलन । स्वता हातांनी उदक व्हरून । कशें निर्माण केलें उद्यान । निरुपण पुराय 'पांचव्यांत' ॥३३॥ रामनम उत्सव थोर । बाळा बोवा किर्तनकार । मशीदमाई जिर्णोद्धार । कथन सविस्तर 'सव्यांत' ॥३४॥ बाबांचो समाधी खंडयोग । धोती पोती असले प्रयोग । बाबा हिंदू काय मुसलमान धोंग । विचार संतांचे अगाध ॥३५॥ बाबांचो भेस वागप दवा । चिलीम धुनी दिवा । तांचें दुयेंस, तांची सेवा । अगम्य देखाव सगलोच ॥३६॥ भागोजी शिंद्याची

१. मोक्षाचें भांडार. २. कल्पवृक्ष.

महाव्याधी । खापर्डेपूत ग्रंथीजोर वखदी । [१]नाना पंढरीदर्शन बुद्दी । सांगतात [२]सुधी 'सातव्यांत' ॥३७॥ नरजल्माचें अपूर्व महिमान । साई भिक्षावृत्ती वर्णन । [३]बायजाबाईंचें संतसेवन । जेवण आगळेपण श्रीसाईंचें ॥३८॥ साई, [४]तात्या, म्हाळसापती सगले । रातचे मशिदींत न्हिदताले । बाबा आगळेपणान वागताले । प्रेमान दोगांय कडेन सारकेच ॥३९॥ राहाता गांवचे खुशालचंद । बाबा शांती ज्ञान कंद । एकामेकांचो प्रेमसंबंद । निरुपण आनंद 'आठव्यांत' ॥४०॥ तात्यासाहेब नूलकर । तात्या पाटील भक्तवर । एक [५]आंग्लभौम गृहस्थ थोर । प्रायश्चीत्त व्हड आज्ञाभंगाचें ॥४१॥ पंचमहायज्ञ करून घेवन । बाबा खाताले भिक्षा अन्न । भिक्षाधिकार संपन्न लक्षण । करताले वर्णन चातुर्यान ॥४२॥ बाबासाहेब तर्खड श्रेश्ठ । खंदे प्रार्थनासमाजिश्ट । जाले साईभक्त एकनिश्ट । कथा उत्कृश्ट 'णवव्यांत' ॥४३॥ लांब फकत हात चार । रुंद तशीच वेंतभर । पांख्याक लोंबकळायिल्ले फळयेचेर । न्हिदप योगेश्वर श्रीसाईंचें ॥४४॥ केन्ना शिरडींत पांय पडले । कितलीं वर्सां वास्तव्य जालें । देहावसान केन्ना घडलें । केलें निरुपण हृदयसंगम ॥४५॥ अंतरांत शांत निरित्शस्थिती । भायर दाखयताले पिशाच्चवृत्ती । लोकसंग्रह नित्य चिंती । अढळ प्रवृत्ती गुरूरायांची ॥४६॥ वेदशास्त्र–धर्मलक्षण । परमार्थ आनी वेव्हार शिक्षण । भक्त अभक्त चित्तपरिक्षण । कुशळटाय विलक्षण सद्गुरूंची ॥४७॥ बाबांची बसका, बाबांचें ज्ञान । बाबांचें ध्यान आनी स्थान । तांचें सामर्थ्य आनी महिमान । कथन पूर्ण 'धाव्यांत' ॥४८॥ सच्चिदानंदस्वरूपस्थिती । दिगंत बाबांची प्रख्याती । डॉक्टर पंडितांची प्रेमभक्ती । [६]सिदिकवृत्ती सांगली ॥४९॥ कशें केलें कुपांक आकर्शण । कशी वाऱ्याचेर सत्ता विलक्षण ।

१. नानासाहेब चांदोरकर. २. जांची बुद्दी उत्तम आसली अशे कवी हेमाडपंत. ३. तात्या पाटील कोते शिरडीकर हांची आवय.
४. तात्या पाटील कोते. ५. इंग्लीशमॅन. ६. सिद्दीक फाळके.

उज्या पसून राखण । सुरस विवरण 'इकराव्यांत' ॥५०॥ [१]काका, [२]धुमाळ, [३]निमोणकर । एक मामलेदार एक डॉक्टर । प्रसंग वेगळो, वेगळे प्रकार । सांगले म्होंवाळ उतरांनी ॥५१॥ नासकाचे अग्नीहोत्री मुळे दुबावी । संत घोलप श्रीराम अनुयायी । तांची साईदर्शन नवलाई । केली निरुपण 'बाराव्यांत' ॥५२॥ बाळा शिंप्याचें हिंवताप नाशन । केलें सुण्याक धंयभात दिवन । [४]बापूसाहेब–महामारी शमन । केलें खावंक दिवन अक्रोड पिस्ते ॥५३॥ आळंदीचे स्वामी गळ्याचे रोगी । आशिर्वादानूच केले निरोगी । हागवणीची पिडा [१]काका भोगी । घालयली भुंयमूग दाण्यांनी ॥५४॥ हर्द्याचे भक्त दत्तोपंत । पोटाच्या दुखण्यान सामके त्रस्त । आशिर्वादानूच केले तांकां मुक्त । समस्त लोकां मुखार ॥५५॥ एका भिमजी पाटलाक । दम्याचें जालें दुयेंस । उदी लावन काडलो कडेक । प्रकार तो सांगलो 'तेराव्यांत' ॥५६॥ नांदेडचे रतनजी पारसी शेट । नामनेचे वेपारी दुखेस्त मनांत । भुरगें दिवन तांकां पुताच्या रुपांत । केले खुशालभरीत श्रीसाईंनी ॥५७॥ मौलीसाहेब गुप्त संत । नांदेड शारांत हमाली करीत । साईसंकेतान वळख पटत । कथा अद्‌भूत 'चवदाव्यांत' ॥५८॥ नारदीय किर्तनपद्‌दत । बाबा दासगणूंक सांगीत । चोळकरांचें एकवत पावोवन घेत । दिवन तांकां च्या साकर ॥५९॥ औरंगाबादेंतल्यान पाल पावली । मशिदींतले पालीक येवन मेळ्ळी । चुकचुकपांतल्यान गजाल सांगली । कथा आयली 'पंदराव्यांत' ॥६०॥ संतती संपत्ती संपन्न । साईंची यशकीर्त आयकून । गृहस्थ एक मेळोवपाक ब्रह्मज्ञान । आयलो शिरडी गांवांत ॥६१॥ जाका जाय आसली ब्रह्मप्राप्ती । ताचीच केली संवसार विरक्ती । सुटपाक जाय धन आसक्ती । पयलीं ताच्या मनांतल्यान ॥६२॥ पांच रुपयांक उदार । जाका रावनासले

१. काका महाजनी. २. नाशिकाचे धुमाळ वकील. ३. नानासाहेब निमोणकर. ४. श्रीमंत बापुसाहेब बुट्टी.

बाबा खीणभर । नोटी आसुनूय बोल्सांत भितर । ब्रह्म ताका दाखयलें कशें ॥६३॥ शैली सुंदर साईबोधाची । प्रसाद वाचा हेमाडांची । भेट जशी दूद साकरीची । कथा मनोहर 'सोळाव्यांत' ॥६४॥ आदले कथेचेंच आख्यान । ब्रह्मज्ञान विस्तारकथन । धनलोभाचें निसंतान । वर्णन म्होंवाळ 'सतराव्यांत' ॥६५॥ साठ्यांची गुरूचरित्रकथा । राधाबाईची उपदेशवार्ता । हेमाडांची अनुग्रहता । कथनकुशळटाय 'अठराव्यांत' ॥६६॥ अनुग्रहकथेचो विस्तार । साई–श्रीबोधानुसार । केल्लो आसा खोल विचार । अध्यायांत 'एकुणिसाव्या' ॥६७॥ ईशाव्यास्य–भावार्थबोधिनी । सुरू केली दासगणुंनी । तातूंत दुबाव उपरासलो मनीं । विचारलो तांणी बाबांक ॥६८॥ बाबांनी म्हणलें [१]काकांची वावराडीण । करतली दुबावाचें निवारण । सद्‌गुरूमहिमा असाधारण । गोड निरुपण 'विसाव्यांत' ॥६९॥ एक प्रांताधिकारी सुलक्षण । दुसरे पाटणकर [२]विचक्षण । तिसरे एक वकील विलक्षण । अनुग्रह तिगांकूय 'एकविसाव्यांत' ॥७०॥ मशीदमाई भवतारका । तीच द्वारावती द्वारका । बाबा सांगीत सकल लोकां । कळना भावार्थ एकल्याकूय ॥७१॥ मशीदमाईचे गूण सांगीत । [३]मिरीकर, बुट्‌टीचें सर्पदंश संकश्ट टाळीत । अमीर सक्कराची वाय घालयत । तशीच तांची घालयली भिरांत सोरपाची ॥७२॥ हेमाडांचें विंचवाचें संकश्ट । हेरां वयलें सोरोप चाबप अरिश्ट । निवारीत आडमरण दुर्घट । प्रसंग प्रगट 'बाविसाव्यांत' ॥७३॥ योग अभ्यासकाचें दुबाव निरसन । [४]माधवरावांचें सोरोप चाबप निवारण । धुनी इंधन, बोकड [५]हनन । केलें वर्णन रोसाळ ॥७४॥ बडेबाबाचो बडेजाव । गुरूआज्ञानिश्ठेचो उणाव । कितलेंय दिलें

१. काकासाहेब दीक्षितांची. २. बारीकसाणीचे. ३. कोपरगांवचे मामलेदार बाळासाहेब मिरीकर.
४. शिरडीचे माधवराव देशपांडे. ५. वध.

तरी भोव [१]हाव । अतृप्त सभाव मूळचोच ॥७५॥ [२]काकासाहेब भक्तश्रेश्ठ । गुरूआज्ञेंत परम एकनिश्ठ । सद्‌गुरूलिला कथन विशिश्ट । केलें उत्कृश्ठ 'तेविसाव्यांत' ॥७६॥ फुटाण्यांचें निमीत करून । हेमाडपंतांक दिली शिकवण । सद्‌गुरू स्मरण केले वीण । विशय सेवन करचो न्हय ॥७७॥ अण्णा बाबरे आनी मावशीबाई । झगडें दोगांय मदीं लायत साई । ते विनोद मस्करेची नवलाई । गायता कविवर्य 'चोविसाव्यांत' ॥७८॥ भक्त दामूअण्णा कांसार । अहमदनगरांत जांचें घर । करपाक सोदताले वेपार । तांदळांचो कापसाचो व्हडलो ॥७९॥ तातूंत जातलें लुकसाण सत्य । आंबो खावन मेळळें [३]अपत्य । सांगीत साई ज्ञानादित्य । निरुपण आयलां 'पंचविसाव्यांत' ॥८०॥ भक्त एक नांवाचे 'पंत' । हेर गुरूं कडल्यान अनुग्रहीत । धाडली तांकां खूण त्वरीत । जाले पंत खुशालभरीत ॥८१॥ हरिश्चंद्र पितळे भक्त । तांचो पूत [४]अपस्मारग्रस्त । कृपेचे नदरेनूच समस्त । गेलें दुयेंत लयाक ॥८२॥ दिले पितळ्यांक रुपया तीन । म्हणलें आदीं दिल्ले दोन । बाबांनी सांगलें करपाक पुजन । रुचीक कथन 'सविसाव्यांत' ॥८३॥ भागवत पोथी हातांत दिवन । परत घेवची प्रसाद म्हणून । [५]काका दीत आस धरून । दिली बाबांनी ती [६]माधवाक ॥८४॥ विष्णुसहस्रनामाची पोथी । एका रामदाशीच्या पोथयांत आसली । ताका कळनासतना बाबांनी घेतली । तीय दिली माधवरावांक ॥८५॥ विष्णुसहस्रनामाची पोथी दिवन । [७]शामरावांक अनुग्रहण । कशें करतात साई दयाघन । जालें कथानिरूपण 'सत्ताविसाव्यांत' ॥८६॥ भक्त लखमीचंद मुनशी । चिडीबाई बुऱ्हाणपुरवाशी । मेघा ब्राह्मण पुण्यराशी । पावले चरणां कडेन श्रीसाईंच्या ॥८७॥ सपनांत सगल्यांक दिवन दृश्टांत । अणभव ताचो मागीर जागेपणांत ।

१. आस. २. काकासाहेब दीक्षित. 3. भुरगें. ४. फेंफरें. ५. काका महाजनी. ६. माधवराव देशपांडे. ७. माधवरावांक बाबा 'शामा', 'शामराव' अशें म्हणीत.

गुरूमाऊलीची अगम्य मात । प्रेमान सांगीत 'अठ्ठाविसाव्यांत' ॥८८॥ भजनी पंगड एक मद्रासाचो । शिरडी क्षेत्रांत एकठांय जालो । पळोवपाक दान औदार्य सुवाळो । भोळा शंकर श्रीसाईंचो ॥८९॥ रघुनाथराव तेंडुलकर । तांच्या पुताचो परिक्षा प्रकार । तांचो पॅन्शनाचो हुसको काबार । लिला मनोहर श्रीसाईंची ॥९०॥ डॉक्टर कॅप्टन हाटे भक्तप्रवर । साईचरणीं प्रेम अपार । दिलें सपनांत दर्शन फांतोडेर । कथानक आगळें 'एकुणतिसाव्यांत' ॥९१॥ [१]सप्तशृंगीदेवी उपासक । काकाजी नांवाचे गृहस्थ एक । पळोवचे साई संतनायक । सांगलें देवीन तांकां दृश्टांतांत ॥९२॥ शामरावान तेच देवीक । केल्ली आदीं आंगवण एक । शामा ती पावोवपाक वणीक । गेले तीस वर्सांनी ॥९३॥ राहात्याचे शेठ चंदखुशाल । पंजाबी ब्राह्मण रामलाल । सपनांत दोगांकूय ''शिरडीक चल'' । हे साईबोल कथन 'तिसाव्यांत'' ॥९४॥ विजयानंद संन्याशी मद्रासी एक । भायर सरले मानसरोवराचेर वचपाक । दवरून घेतलो आपल्या सांगाताक । श्रीहृषिकेशी साईंनी ॥९५॥ आनीक एक भक्त मानकर । साईपदकमल मधुकर । हिंस्रक्रूर वागाचो उद्धार । सुंदर कथन 'एकतिसाव्यांत' ॥९६॥ आमी चौग सज्जन संत । भोंवले रानांत देव सोदीत । हांव जातकूच अभिमान गलीत । दर्शन दिलें म्हाका गुरूरायान ॥९७॥ उपोशण करपाची गोखलेबाई । अशीच दुसरी कथा श्रीसाई । सांगीत स्वमुखान तिची नवाई । गायतात हेमाड 'बत्तिसाव्यांत' ॥९८॥ नारायण जानीच्या इश्टाक । मारलो अचकीत विंचवान घांस । एका भक्ताचे धुवेक । दिलो त्रास जोरान ॥९९॥ चांदोरकरांचे धुवेक भरपूर । त्रास बाळंटेरा वेळार । जानी स्वता दुख्खी त्या वेळार । सुचनासलें कोणाक कितेंच ॥१००॥ कुलकर्णीसाहेब भक्तवर ।

१. हे देवीचें स्थान वणी गांवांत आसा.

बाळाबुवा भजनकार । उदीचो प्रभाव अपार । कळळो खरेपणीं सगल्यांक ॥१०१॥ भक्त हरिभाऊ कर्णीक । श्रद्धावंत आनी भावीक । तांचे दक्षणेची कथा मोहक । बोध दिवपी 'तेत्तिसाव्यांत' ॥१०२॥ मालेगांवचे एक डॉक्टर । पुतणयो हाड्याव्रणान [1]जर्जर । पिल्ले डॉक्टर भक्तप्रवर । पिडीत भिरांकूळ नारू दुयेसान ॥१०३॥ बापाजी शिरडीकर । घरकान्न ग्रंथीजोरान जर्जर । एक इराणी ल्हान पोर । दुखेस्त भिरांकूळ आंकडेन ॥१०४॥ हर्द्याचे एक गृहस्थ । मुतखड्यान अत्यवस्थ । मुंबयचे एक प्रभू कायस्थ । घरकान्न दुखेस्त बाळंटेराच्या त्रासांनी ॥१०५॥ वयल्या व्याधींचें उच्चाटन । फकत उदी, स्पर्श करून । जालें लागनासतना खीण पसून । निरुपण रोसाळ 'चवतिसाव्यांत' ॥१०६॥ महाजनींचे इश्ट एक । निर्गुणाचे पूर्ण भजक । ते जाले मुर्तीपुजक । फकत दर्शनान एकाच ॥१०७॥ धरमसी जेठाभाई ठक्कर । मुंबयचे एक सॉलिसिटर । बियांचीं द्राक्षां निर्बीज सत्वर । दितेल गुरूवर तांकां करून ॥१०८॥ वांदऱ्याचे एक कायस्थ । तांकां न्हीद पडनासली स्वस्थ । बाळा पाटील नेवासस्थ । घेतलो उदी अणभव 'पस्तिसाव्यांत' ॥१०९॥ गोंयचे दोग गृहस्थ । वेगळ्योवेगळ्यो आंगवणी करीत । एक चोर मेळचो म्हूण मागीत । दुसरो सेवानिवृत्ती खातीर ॥११०॥ दोगूय विसरले आंगवण । साईसमर्थ करून दीत स्मरण । ब्रह्मांडव्याप्ती त्रिकालज्ञान । कीर्त कोण शकत सांगपाक ॥१११॥ औरंगाबाद सखाराम [2]जाया । पूत जावचो म्हूण साईंच्या पांयां । कथन 'छत्तिसाव्यांत' कथा आशया । केली इत्सापुर्ती दिवन श्रीफळ ॥११२॥ चावडेचो खाशेलो सुवाळो । हेर कडेन मेळना पळोवंक असलो । हेमाड वर्णितात प्रत्यक्ष पळोवन तो । कथा रोसाळ

१. पिडेस्त. २. घरकान्न.

'सात्तिसाव्यांत' ॥११३॥ हांड्यांत पदार्थ भिन्न । शिजयताले तरेकवार पक्वान्न । दिताले सगल्यांक प्रसाद जेवण । वर्णन आगळें 'आठ्ठिसाव्यांत' ॥११४॥ ''तद्विद्धि प्रणिपातेन'' । ह्या गीताश्लोकाचें विवरण । करतात चांदोरकरांक कथन । संस्कृत अभिमान घालोवपाक ॥११५॥ दृश्टांत दिवन म्हासंत । बापूसाहेब बुट्टींक सांगीत । देवूळ बांदपाची आज्ञा करीत । आयल्या ती कथा 'एकुणचाळिसाव्यांत' ॥११६॥ मातोश्रींचें एकवत उद्यापन । [१]देव घालीत ब्राह्मणभोजन । साईंक दीत आमंत्रण । बरोवन भक्तीपूर्ण पत्र एक ॥११७॥ संन्याशीभेस करून । आयल्यो त्या दिसा विभुती तीन । ब्राह्मणां वांगडा गेले जेवन । कळना [२]विंदान गुरूरायांचें ॥११८॥ दिवन दृश्टांत हेमाडांक । आयले बाबा जेवपाक । फोटुरुपांतल्या धरून भेसाक । वर्णन म्होंवाळ 'चाळिसाव्यांत' ॥११९॥ फोट्याचीच कथा विस्तारून । करतात कवी भक्तांक कथन । सद्गुरूचें अतर्क्य महिमान । निरुपण रमणीय रोसाळ ॥१२०॥ करून धारण रुद्रावतार । जावन तांबडे [३]खदिरांगार । करून गाळींचो शिंवर । तिडकले [१]देवांचेर श्रीसाई ॥१२१॥ ''नित्य नेमान श्रीज्ञानेश्वरी । वाच'' म्हणीत साई श्रीहरी । सपनांत सांगीत वाचपाची परी । वर्णिता हेमाड 'एकेचाळिसाव्यांत' ॥१२२॥ भक्त दात्यांची [४]त्रिपुंड्रलेपना । साई देहावसानाची पूर्वसुचना । चुकयलें [५]रामचंद्रांच्या मरणा । तशेंच [६]तात्याचेंय ॥१२३॥ साईसद्गुरू निर्वाण वार्ता । हाडटा श्रोत्यां मदीं उद्विग्नता । व्याकूळ करता हेमाडचित्ता । कथा ती आयल्या 'बेचाळिसाव्यांत' ॥१२४॥ बाबांचो महानिर्वाण वृत्तांत । उरिल्लो अपूर्ण फाटल्या अध्यायांत । तोच पूर्ण हेमाडपंत । करतात 'त्रेचाळिसाव्यांत' ॥१२५॥ एकदां काकासाहेब दीक्षित । [७]काका आनी

१. बाळकृष्ण विश्वनाथ देव. २. अघटीत करणी. ३. भडंग. ४. तीन पट्यांचो तिबो. ५. रामचंद्र पाटील शिरडीकर. ६. तात्या कोते. ७. काका महाजनी.

माधवा सांगातांत । वाचीत आसतना नाथ भागवत । दुबाव मनांत उपरासलो ॥१२६॥ [१]माधवराव दुबाव घालयत । समाधानी जायनासले दीक्षित । आनंदराव पाखाडे सपन सांगीत । करीत पयस दुबाव ॥१२७॥ पाख्याक लांबयिल्ले फळयेंत । म्हाळसापती कित्याक ना न्हिदत । साई समर्थ दुबाव घालयत । कथा कुशळटाय 'पंचेचाळिसाव्यांत' ॥१२८॥ जाग्यारूच बसून भोंवडी सगल्याक । चमत्कारसत्र दाखयत लोकांक । अदृश्यान वचत काशीक गयेक । चरित्र अद्‌भूत श्रीसाईंचें ॥१२९॥ चांदोरकर धुवेची लग्न पर्वणी । शामाक वचपाक सांगीत संतमणी । शामा पळयत बाबांक दोळ्यांनी । गयापट्‌टणीं फोटवा रुपान ॥१३०॥ दोन बोकडांचें पूर्वजल्म कथन । करीत साईत्रिनेत्र स्वमुखान । रम्य म्होंवाळ पवित्र गहन । कथावर्णन 'शेचाळिसाव्यांत' ॥१३१॥ अशीच एक सोरपाची बेब्याची । वा आशेखोर सावकाराची रिणकाराची । कथा तांच्या फाटल्या जल्माची । साई ब्रह्मदेव हरिहर ॥१३२॥ वैर हत्त्या आनी उपकार । परत जल्म ते फेडपा खातीर । कथामृतपान करून घेत साईश्वर । हृद्य कथन 'सत्तेचाळिसाव्यांत' ॥१३३॥ एक शेवडे भक्तप्रवर । एक अभावीक सपटणेकर । एकाचो वकिली परिक्षा प्रकार । कृपा दुसऱ्याचेर 'अठ्ठेचाळिसाव्यांत' ॥१३४॥ हरी कान्होबा मुंबयचे । स्वामी सोमदेव कपटी मनाचे । येवजणेन संतपरिक्षणाचे । आयले धरून अभिमान शिरडीक ॥१३५॥ दर्शन घेतांच मनोगत सांगलें । दोगूय तातूंत लज्जीत जाले । साईचरणीं लक्ष लागलें । पाप सोंपलें जल्मांतरीचें ॥१३६॥ बाबां कडेन बशिल्ले आसतना । अस्तुरेक एके पळोवन जेन्ना । चाळवलें चांदोरकरांचें मन तेन्ना । केलो उपदेश तो 'एकुणपन्नासाव्यांत' ॥१३७॥

---

१. माधवराव देशपांडे.

''तद्विद्धि प्रणिपातेन'' । हाचोच अर्थ विस्तारून । करीत ताचेंच समर्थन । रघुनाथनंदन 'पन्नासाव्यांत' ॥१३८॥ दीक्षित हरी सीताराम । भक्त धुरंधर बाळाराम । नांदेड वकील पुंडलीक नाम । पावले शिरडी कशे पयले फावटीं ॥१३९॥ एकएकल्याची कथा अद्‌भूत । आयकून श्रोते जायत विस्मीत । भक्त मनांत उचांबळत । वृत्त हें सांगलां 'एकावनाव्यांत' ॥१४०॥ करून ग्रंथसिंहावलोकन । उपरांत घेत पसायदान । खलांचें खलत्व घालोवन । करची राखण सज्जनांची ॥१४१॥ सद्‌गुरूचरणीं लीन जावन । मस्तक लिखणी ओंपून । ग्रंथ सगलो सोंपोवन । कृतार्थ लेखन 'बावनाव्यांत' ॥१४२॥ अशे श्रीसाईसच्चरीत अध्याय । पूर्ण करीत गोविंदराय । प्रेमान वंदून तांचे पांय । करतां नमन गुरूमायेक विश्वाचे ॥१४३॥ अध्याय अध्यायसार–कथिका । तिकाच म्हणटात अवतरणिका । कैवल्यपुरीची सत्पथिका । आसा जी मोक्ष इत्सुप्याक ॥१४४॥ शेल्याक बोंथरांचो पदर । म्हणून दितले न्हयकार । पूण दासविनंती [१]एकवार । आयकुची चतूर श्रोत्यांनी ॥१४५॥ शेलो न्हय सान गोंडस नीट । लागची न्हय म्हूण कोणाची दिश्ट । अवतरणिका ही काळी [२]तीट । [३]बाळ धीट लायता तिका ॥१४६॥ ग्रंथ सुंदर स रसांचें अन्न । अध्याया खातीर पदार्थ भिन्न । पुराय पचनाक ताकपान । तशीच लिखाणाक अवतरणिका ॥१४७॥ ग्रंथ कामधेनू सदाफला । अध्याय अवयव पवित्र [४]विमला । दिश्ट लागची न्हय घाली गळा । दिश्टमण्यांची माळ ही अवतरणिका ॥१४८॥ आसूं, आतां अध्याय पद्‌दत । पंत हेमाड जी आचरीत । श्रोत्यांनो आदरान आयकात । सांगतां ती यथामती ॥१४९॥ सुरवातीक सद्‌गुरूस्तवन । उपरांत वेदान्त निरूपण । साई ब्रह्मस्वरूप वर्णन । अणभव

१. एकदांच. २. तिबो. ३. बाबांचो बाळू. ४. निर्मळ.

कथन ताचे उपरांत ॥१५०॥ हेमाड मूळचेच विद्वान । तातूंत सद्‌गुरूमाई प्रसन्न । त्याच खिणाक केले प्रतिभासंपन्न । ग्रंथ–पक्वान्न निर्मुपाक ॥१५१॥ जेन्ना अणभवतले हाची गोडी । बंद थंयच जल्ममरण नाडी । निर्वाणपदाची वतनवाडी । मेळटली जोड अक्षय्य ॥१५२॥ हेमाडांची रोसाळ वाचा । साईप्रसाद लाभ साचा । योगरसाचो दूद, उसाच्या । थाट ग्रंथाचो वर्णुचो कितलो ॥१५३॥ आसतले अनेक ग्रंथकार । येना प्रसादवाणयेचो अधिकार । मेळटा जेन्ना सद्‌गुरू साचार । विश्वाधार रमापती ॥१५४॥ केलें जरी विद्याअध्ययन । जमना असलें ग्रंथ लेखन । मेळ्ळे बगर सद्‌गुरू आशिर्वचन । सत्य वचन त्रिवार ॥१५५॥ कोण वर्णीत श्रीसाईसच्चरिता । कितली अनुपम ग्रंथयोग्यता । मेळ्ळो हेमाडपंता सारको कर्ता । परम सौभाग्यताय मोक्ष इत्सुप्यांची ॥१५६॥ हाचे सारको ग्रंथ [1]महितळी । तशीच कीर्त भूमंडळी । गोविंदरायांनी केली दिवाळी । वेळारूच मोक्ष इत्सुप्यां खातीर ॥१५७॥ ग्रंथ बाप धन्य धन्य । साई सद्‌गुरू प्रसादजन्य । मोक्ष इत्सुप्यांक जातलो मान्य । विचार दिवाळखोरी फेडटलो ॥१५८॥ अनंत जल्मांच्या पुण्याचो [2]ठेवा । म्हणून घडली साईसेवा । मेळ्ळो रुचीक हो मेवा । गोविंदरावांक ग्रंथलेखनाचो ॥१५९॥ पंत हेमाड खंदे भक्त । कवी वेदांतविद्यासक्त । साईसद्‌गुरू चरण अनुरक्त । आसताले जे दीसरात ॥१६०॥ वेदांत विशय खूब गहन । भक्ती विरक्ती ज्ञानाची जोड दिवन । असो ग्रंथ करप निर्माण । कुस्तार गुरूकृपे बगर ॥१६१॥ अध्याय न्हय हीं [3]हेमकोंदणां । भरलीं तातूंत कथा अमोलरत्नां । तातूंतलीं अर्थप्रभा किरणां । महायत्नांनी गोविंदरायांनी ॥१६२॥ अनेक अध्याय सुगंध फुलांच्यो माळा । ओंपताले श्रीसाईसद्‌गुरूगळा । गोविंद मती प्रेमळ बाळा । भोव निर्मळ

१. पाताळांत. २. थेवो. ३. अळंकारांत हिरे, बी बसोवपा खातीर दवरिल्ले सुवाते भोंवतणीं जें भांगराचें काम केल्लें आसता तें.

भावनेन ॥१६३॥ अनेक अध्याय शुद्ध [1]हेमकुंभ । तातूंत साईसच्चरीत [2]गगांभ । भरून दवरीत रघुनाथपुत्र । मोक्ष इत्सुप्यांचें धोंग घालोवपाक ॥१६४॥ अनेक ग्रंथ रणांगणनभ । उबारीत अध्याय यशस्तंभ । मारून राकेसांचो दर्पअभिमान धोंग । रघुनाथपुत्र मनाचे तरसादीन ॥१६५॥ ग्रंथ रत्नजडीत पंचारती । अध्यायकथा अर्थ स्नेहसुत्रज्योती । घेवन येतात विरक्ती शांती । संतम्हाराजांक उंवाळपाक ॥१६६॥ ग्रंथमाया विश्वमोहन । अध्याय भोव ऊंच उबोवन । कथाअर्थ बाजुबंद काया शृंगारून । तयार आलिंगनाक श्रीसाई ॥१६७॥ साईसच्चरीत ग्रंथसम्राट । अध्याय रम्य हुशार [3]भाट । श्रद्धा ज्ञान वेदांत थाट । वैभव अफाट वर्णितात ॥१६८॥ साईसच्चरीत परमार्थ–[4]हाट । एकेक अध्याय तातूंतली पेठ । अणभवकथा वस्त दाट । रचल्यात नीट कविवर्यांनी ॥१६९॥ ग्रंथ गंगापात्र विराट । अध्यायरचना सुबक [5]घाट । कथासार अमृतप्रवाह अचाट । सामर्थ्य अफाट गुरूकृपेचें ॥१७०॥ ग्रंथ न्हय हो कल्पवृक्ष । संवसारजनांक दिसता [6]रूक्ष । मोक्ष इत्सुप्यांक फकत मोक्ष । अणभव प्रत्यक्ष पळोवचो ॥१७१॥ हाकाच म्हणचें खरें स्मारक । संवसार काळोख, ताप हारक । मोहमाया नरक तारक । शांती दायक अक्षय्य ॥१७२॥ ग्रंथकार राव गोविंद । साईसद्गुरू चरण अरविंद । नित्य नवो मध मकरंद । चाखीत भोंवरो जावन ॥१७३॥ आडनांव जांचें 'दाभोलकर' । आंग्लप्रभुसेवा तत्पर । विद्या विनय आचार विचार । अधिकारसंपन्न जे आसले ॥१७४॥ रखुमाबाई तांची [7]गृहिणी । सुशील भावीक सद्गुणी । पतिव्रता विनतवाणी । साईचरणीं दृढभाव ॥१७५॥ वेंगुर्ल्यालागीं 'दाभोळी' । मूळ वस्ती थंय जाली । 'केळवें' गांवांत उपरांत केली । वसणूक वाडवडलांनी कविंच्या ॥१७६॥ शके

१. भांगराची कळशी. २. गंगेचें उदक. ३. तोखणाय करपी. ४. बाजार. ५. स्वरूप. ६. सुको. ७. घरकान्न.

सतराशें एक्यांयश्यांत । शुक्ल पंचम मार्गशीर्ष म्हयन्यांत । रघुनाथांची घरकान्न लक्ष्मीच्या कुसव्यांत । जल्मले पुण्यराशी गोविंद ॥१७७॥ गौड सारस्वत ब्राह्मण जात । गोत्र भारद्वाज पिराय [१]सत्तरांत । अंतरले अठराशें एकावनांत । आशाढ शुक्ल नमी दिसा ॥१७८॥ शके अठराशें चवेचाळिसांत । ग्रंथ सुरू केलो चैत्र म्हयन्यांत । बावनावो अध्याय ज्येश्ठ [२]म्हयन्यांत । शके एकावनांत केलो पूर्ण ॥१७९॥ गोविंदरावांक एकूच पूत । पांच धुवो, चौगी विवाहीत । पुतूय लग्न जाल्लो वैजकी शिकत । धूव आंकवार शिकताली तेंच ॥१८०॥ आतां सांगतां पारायण पद्दत । तशीच सप्ताची सगूण रीत । दिल्या गुरूचरित्र वा हेर ग्रंथांत । कृपा करून आयकुची ॥१८१॥ नितळ करून अंतस्कर्ण । भक्तीभावान करचें पारायण । एक दोन वा तीन । दिसांनी करचें पूर्ण । जातले प्रसन्न साईनारायण ॥१८२॥ नाजाल्यार करचो सप्ता गोड । मेळटली पुण्यसंपत्तीची जोड । साई पूर्ण करतले मनांतले कोड । जातली हार भवभंयाची ॥१८३॥ बिरेस्ताराची करची सुरवात । फांतोडेर न्हाण घेतले उपरांत । बसचें आपल्या आसनांत । सोंपोवन बेगोबेग नित्यकामां ॥१८४॥ माटोव घालचो सोबीत विस्तीर्ण । केळी गबे कपडो बांदून । वयर सुंदर आच्छादन । घालून करचो ताका सोबिवंत ॥१८५॥ तातूंत करचें उच्चासन । उपरांत ताचे चारूय वटेन । रांगोळी रंगयाळी घालून । सजोवचें तेंय सोबीत ॥१८६॥ साईसद्गुरूची मुर्ती करून । वा फोटू सोबीत घेवन । आसनार दवरचो जतनायेन । करून नमस्कार प्रेमपुर्वक ॥१८७॥ रेशमी वस्त्रांत ग्रंथ बांदून । सद्गुरू कुशीक ताका दवरून । पांच उपचारांनी दोगांकूय पुजून । करची सुरवात वाचपाक ॥१८८॥ एकवत धरचें आठ [३]वासर । घेवचें दूद वा

१. पिरायेच्या 70 व्या वर्सा. २. शके अठराशें एकावन. ३. दीस.

फळांचो आहार । वा भाजिल्लो धान्य प्रकार । घेवचो रातचोच वा जेवण एकूच ॥१८९॥ उदेंतेक तोंड करून । सद्‌गुरूमुर्ती मनांत स्मरून । सुरवात शुद्ध मनोभावान । करची ग्रंथ वाचनाक ॥१९०॥ आठ आठ आनी सात । आठ स आठ सात । असो सात दिसांचो पाठ । आठव्या दिसा फकत अवतरणिकाच ॥१९१॥ आठव्या दिसा एकवत पारायण । करून निवेद्य श्रीसाईनारायण । जेवण सोयरे, ब्राह्मण आपोवन । दिवची दक्षणा यथाशक्ती ॥१९२॥ आपोवन वैदीक ब्राह्मणा । करची रातीं वेदघोशणा । दूद साकर पान दक्षणा । दिवन करचे तांकां धादोशी ॥१९३॥ अखेरेक वंदून सद्‌गुरूचरणां । ओंपची तांकांय योग्य दक्षणा । धाडची ती भांडार [१]भुवना । संस्थाननिधी वर्धना खातीर ॥१९४॥ हातूंतल्यान धादोसतले साईभगवान । दितले भक्तांक पसायदान । संवसारभंय सोरपाक घालतले धांवडावन । दाखयतले भांडार मोक्षाचें ॥१९५॥ श्रोते संत माहेरघर । पडूं पडल्यार अवतरणिका विसर । दवरची ग्रंथ अर्थाचेर नदर । मागता सेवक चरणां कडेन ॥१९६॥ श्रोते सज्जन [२]कृतांत काळ । आसची दासाचेर दया अढळ । दवरून तुमच्या चरणांचेर कपाळ । प्रार्थिता बाळ बाबांचो ॥१९७॥ उणें चड आसतलें जें जें । तें तें दिवचें म्हाका म्हजें । सार घेवन सोबता तशें । करात चित्त तुमी श्रोत्यांनो ॥१९८॥ नमो साई शिवनंदना । नमो साई [३]कमलासना । नमो साई मधुसुदना । [४]पंचवदना साई नमो ॥१९९॥ नमो साई [५]अत्रिनंदना । नमो साई [६]पाकशासना । नमो साई [७]निशारमणा । अग्नीनारायणा साई नमो ॥२००॥ नमो साई रुक्मिणीवरा । नमो साई चिद्‌भास्करा । नमो साई ज्ञानसागरा । ज्ञानेश्वरा श्रीसाई नमो ॥२०१॥ अवतरणिका वाक्य पुष्पांजली । तशीच नमन नामावली । प्रार्थितां

१. शिरडी संस्थानाच्या भांडारांत. २. मृत्यू. ३. ब्रह्मदेव. ४. शंकर. ५. दत्त. ६. इंद्र. ७. चंद्र.

ओंपून गुरूपदकमलीं । जावची साईमाऊली खुशाल ॥२०२॥ इति श्रीसाईसद्‌गुरू प्रेरीत । दास बाबा बाळ विरचीत । श्रीसाईसमर्थसच्चरीत । जय अणकारीत अवतरणिका नामं त्रिपंचाशत्तमोध्यायः संपूर्णः ॥ ॥ ॥ ॥

॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ॥ शुभं भवतु ॥

॥ समाप्तोऽयं ग्रंथः ॥